AKASHVANI PANAJI REGIONAL NEWS 7.25 AM 18TH JAN 2025

विज्ञान मंथन

राज्य पांवड्यावेले विद्यार्थी विज्ञान मंथन शिबिर फाल्या १८ जानेवारी दिसा कुजीरा डॉ. हेडगेवार उच्च माध्यमिक विद्यालयात जातलें. राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेचे प्रधान वैज्ञानिक डॉ. सुशांत नायक हांच्या हस्तुकी ह्या शिबीराचे उक्तावण जातले. विद्यार्थी विज्ञान मंथन कार्यावळीचे अध्यक्ष प्रसाद रांगणेकर हांणी ह्या विशी चड म्हायती दिली.

RASHMI

राज्यांतल्या विमानतळां कडेन चड विमान सेवा आकर्शीत करपा खातीर गोंय सरकारान एक वर्सा खातीर ₹2 कोटी रुपयांची विमान कंपन्यो प्रोत्साहन येवजण थारायल्या अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी जाहीर केलें. हे येवजणे खाला गोंयांत अतिरिक्त विमान सेवा वा नवे मार्ग सुरू करपी विमान कंपन्यांक नव्या जोडणी मार्गां सयत दर विमानाक सुमार ₹2 लाख प्रोत्साहन दितले. देशी आनी आंतरराष्ट्रीय हवाई संपर्क घटमूट करपाचो हे उपक्रम आसा. दाबोली विमानतळ आनी मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ ह्या दोनूय विमानतळार ही प्रोत्साहन येवजण लागू जातली अशें सावंत हांणी विधानसभेंत सांगलें. दाबोली विमानतळ बंद जावचो ना अशें तांणी खरपणान आश्वासन दिलें.

## रान महोत्सव

गोवा रान विकास महामंडळा वतीन आज सावन गोवा रान विविधता महोत्सव २०२६ सुरु जाता. सांजे ५:३० वराचेर आर्ट पार्क-कांपाल, पणजी हांगा मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत मानाचे सोयरे केंद्रीय वीज आणि नवीन आणि अक्षय्य ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक रान, भलायकी शार आणि ग्राम नियोजन, विकास, बायला आणि बाल विकास मंत्री विश्वजीत पी. राणे पर्यटन, माहिती आणि तंत्रज्ञान मंत्री रोहन खंवटे, महसूल, मजूर आनी कोयर व्यवस्थापन मंत्री आतानासियो मोन्सेरात, कल्याण, कला आणि संस्कृती मंत्री, आदिवासी मंत्री रमेश तवडकर राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे आणि गोवा रान विकास महामंडळ आणि आमदार डॉ. देविया राणे हांच्या उपस्थितीत जाले हे वेळार पणजी महापालिकेचे महापौर रोहित मोन्सेरात, मुख्य सचिव डॉ. व्ही. कंदवेलू ,प्रधान मुख्य रान संवर्धक कमल दत्ता हजर आशील्ले.

## लोकोत्सव-२०२६-

गोंय सरकार, कला आनी संस्कृती संचालनालयान 20 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन लोकोत्सव घडोवन हाडला.ह्या वर्सुकी लोकोत्सव-2026 भारतभरांतल्या लोककला आनी हस्तकलेचो सोबीत मिश्रण सादर करतले अशी म्हायती कला संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हाणी दिली. ह्या वेळार दिग्दर्शक विवेक नायक हाजीर आशिल्ले.कला अकादमीच्या दर्या संगम हांगा हो महोत्सव आयोजीत करतले. ह्या वेळार सुमार ५०० लोक कलाकार आपल्या राज्यांतले आनी महोत्सवांतले वेगवेगळे लोकनाच आनी संगीतसादरकरतले. ह्या महोत्सवांत सुमार 700 कारागिर आपले हस्तकलेचें

प्रदर्शन करतले.गोंयचे 30 परस चड लोक पंगड घोडे मोडणी, जागोर, मुसळ, दीपनृत्य, गोफ, देखणी, मांडो अशे गोंयचे वेगवेगळे लोक नाच सादर करतले. कुणबी/दांडला खेळ, तालगडी, मोरुलो, वीरभद्र आणि धनगर हे वेगवेगळ्या दिसांनी सादर करतले. हेर राज्यांतले कलाकारय आपली प्रतिभा दाखयतले. उक्तावण सांजवेळा 6 वरांचेर जातलें. मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हाजीर आसतले.

चित्पावनी

चित्पावनी ही एक वैशिष्ट्यपूर्ण बोलीभाषा आसा. ताची जतनाय करपाचो यत्न गोयातले कांय चित्पावनी कुटुंब करतात ह्याच फाटभुयेर पयले जागतिक चित्पावनी भाषा संमेलन आयोजन केला. चित्पावनी भाषा संवर्धन संघ आनी चित्पावन ब्राह्मण संघ,गोमंतक हांच्या जोड पालवान आयोजित पयले जागतिक चित्पावनी भाषा संमेलन फाल्या सकाळी ९ ते सांजे ६ मेरेन श्री देवी योगेश्वरी देवस्थान सभागृह, सर्वण, कुळण, सांखळी हांगा आयोजित केला. मुखेल सोयरे मुख्यमंत्री दो. प्रमोद सावंत आसतले. मानाचे सोयरे म्हण TJSB सहकारी बँक लिमिटेड, ठाणे चे .शरद नरहर गांगल आनी प्रमुख वक्ते भांडारकर ओरिएंटल रिसर्च इन्स्टिट्यूट पुणे आनी गोखले इंस्टिट्यूट ऑफ़ पॉलिटिक्स ॲन्ड इकोनॉमिक्स, पुणेचे प्रा. डॉ. प्रदीप आपटे आसतले. ह्या कार्यावळीक व्हडा प्रमाणात हजर रावचे अशे आवाहन स्वागताध्यक्ष सुबोध फड़के,संमेलनाध्यक्ष शरद गांगल, विनीत गाडगीळ आनी दिपक मराठे हाणी केला.

## फुटबॉल

बेतालभाटी स्पोर्टींग क्लबान दुसऱ्या फर्नांडो अब्रान्चेस यादस्तीक फुटबॉल सर्तीच्या उपांत्य फेरयेत पावल घालताना यजमान युनाइटेड क्लब ऑफ वेर्णा पंगडाचेर पेनल्टी शूट आऊटत ४-१ गोलानी जैत मेळयलें.

## वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २२.३ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले .काय प्रमाणात धुके पातळू येता.